Akashwani Panaji 6th May 2026 National news 8.40 am

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत व्हिएतनामाचे राष्ट्राध्यक्ष तो लाम हांचा कडेन उलोवणी करतले.

* विधानसभा वेंचणुकेचो निकाल जाहीर जाले उपरांत अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी केरळमांत सरकार घडोवपा खातीर राजकी वावर खर जाला.

* केंद्रीय मंत्रीमंडळान 5,600 कोटी रुपया परस चड खर्च करून कापूस उत्पादकता मिशन Kapas Kantiक मान्यताय दिल्या.

* शेतकारांक 4,800 कोटी रुपयां परस चड मोलाचो किमान आदार दर दिवन सरकारान शेतकारांच्या हितांत निर्णायक पावल उबारलां.

जयशंकर

विकास सहकार्य हो भारत आणि जमैका मदल्या भागीदारीचो एक प्रमुख आधारस्तंभ आसा अशे विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस. जयशंकर हानी सांगले. जमैकाच्या विदेश वेव्हार मंत्री कामिना जॉन्सन स्मिथ आणि हेर मंत्रिमंडळ सदस्यां वांगडा जाल्या बसंके उपरांत डॉ. जयशंकर माध्यमांकंडे उलयताले. विदेश वेव्हार मंत्र्यानी ही चर्चा व्यापक आणि महत्त्वपूर्ण आशिल्ली जातुन द्विपक्षीय संबंधांच्या सगळ्या तासांचो समावेश आशिल्लो आणि सहकार्य अधिक घटट करपाक नवीन मार्ग सोदले अशे सांगले. तानि नमूद केले की, दोन्ही देशांनी खुपशा महत्त्वाच्या कबलातींचेर सय केली आणि ठोस परिणाम सुनिश्चित करपाक डिजिटल परिवर्तन, सांस्कृतिक देवाणघेवाण, खेळ आणि डिजिटल पेमेंट यांसारख्या क्षेत्रांत हालीत जाल्या समजकायेच्या कबालातीच्या प्रभावी अंमलबजावणीर चर्चा केली byte relation

अंदूं मार्चांत किंग्सटन  टाउनांत ग्रामीण उदरनिर्वाह सुदारपाचो प्रकल्प यशस्वीपणान पुराय जाल्ल्याचेर आनी हस्तांतरीत जाल्ल्याचेरूय DR जयशंकर हांणी भर दिलो.भारत-un विकास भागीदारी निधी खाला भारताच्या दशलक्ष डॉलराच्या पालवान हो प्रकल्प चालीक लायला अशें तांणी सांगलें. तशेंच विदेश वेव्हार मंत्री dr s जयशंकर हांणी जमैकाच्या किंगस्टन हांगाच्या वेस्ट इंडीज विद्यापिठांत 'अ वर्ल्ड इन ट्रांझिशन' आनी भारताच्या प्रतिसादाचेरूय उलोवाप केले. byte kingston

Election

विधानसभा वेंचणुकेचो निकाल जाहीर जाले उपरांत अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी केरळमांत सरकार घडोवपा खातीर राजकी वावर खर जाला.अस्तंत बंगाल विधानसभा वेंचणुकेंत भाजपाक मेळिल्ल्या व्हड जैता उपरांत राज्यांत नवे सरकार घडोवपाची आनी सोपूत घेवपाची तयारी पुराय सुरू आसा. ह्या म्हयन्याचे णव तारखेक म्हणल्यार गुरूदेव रवींद्रनाथ टागोर हांच्या जयंतीदिसा निमतन नव्या मंत्रीमंडळ वांगड्यांची सोपूत घेवपाची शक्यताय आसा. ह्या सुवाळ्याक प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी केंद्रीय गृहमंत्री अमित शाह हाजीर रावपाचे आसात.तमिळनाडूंत सी जोसेफ विजयाचो तमिलागा वेत्री कळगम (टीव्हीके) पक्ष हो राज्यांतलो एकूच व्हडलो पक्ष म्हणून उदेला आनी ताका 108 सुवाती मेळ्ळयात.पक्षाच्या बळिश्ट वेंचणुकांनी पदार्पण केल्या उपरांत नव्यान वेंचून आयिल्ल्या टीव्हीके आमदारांनी चेन्नय लागसारच्या पनायूर पक्षाच्या मुखेल कार्यालयांत विधीमंडळ पक्षाचे बसकेंत विजयाक आपलो फुडारी म्हूण औपचारीकपणान वेंचून काडला. मजगतीं, निवृत्त जावपी मुख्यमंत्री एम. स्टालिनान आपलो राजिनामो राज्यपालाक सादर केला आनी ताका मान्यताय मेळ्ळ्या.पुडुचेरी विधानसभा वेंचणुकेंत नॅशनल डेमोक्रेटिक आलायन्सान निर्णायक जैत मेळयल्या उपरांत एक दीस नव्या सरकाराची निर्मिती करपा विशीं  सल्लामसलती सुरू जाल्या.केरळांत काँग्रेसीच्या फुडारपणा खाला युडीएफ सरकार घडोवपा खातीर अनौपचारीक चर्चा चालू दवरता.

Pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत व्हिएतनामाचे राष्ट्राध्यक्षा तो लाम हांच्या कडेन उलोवणी करतले. दोनूय फुडारी द्विपक्षीय संबंदांच्या तशेंच परस्पर हिताच्या प्रादेशिक आनी जागतीक प्रस्नांचेर व्यापक चर्चा करतले.व्हिएतनामाचे राष्ट्राध्यक्ष काल भारताचा तीन दिसांच्या भोंवडेर नवी दिल्लीत पावले . तांकां विमानतळार गृह राज्यमंत्री नित्यानंद राय हांणी येवकार दिलो. ताचे वांगडा व्हिएतनाम सरकाराचे जायते मंत्री आनी वरिश्ठ अधिकारी आशिल्ले. एप्रीलांत, ह्या वर्सा, व्हिएतनामाचे राष्ट्राध्यक्ष म्हणून वेंचून आयल्या उपरांत, राष्ट्राध्यक्ष तो लाम हांची ही पयली भारता भेट असतली . प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी व्हिएतनामाचे राष्ट्राध्यक्ष हांचे मदीं उलोवणी जाले उपरांत जायत्या समजीकायेच्या कबलातीचेर स्वाक्षरी जातली. राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आज सांजवेळार राष्ट्रपती भवनांत व्हिएतनामी समकक्ष हांचे कडेन बसका घेतली .

vaishnav

भारताच्या कापूस क्षेत्रांतल्या अडचणीं, उणी जायत वचपी वाड आनी गुणवत्तेच्या हुस्क्याक तोंड दिवपा खातीर केंद्रीय मंत्रीमंडळान 5,600 कोटी रुपया परस चड खर्च करून कापूस उत्पादकता मिशन Kapas Kantिक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत उलयतना म्हायती आनी प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी , फार्म ते फायबर, फक्टरी ते फशन आनी फॉरेन ह्या सरकाराच्या 5एफ दृश्टीकोना कडेन हें मिशन जुळटा आनी कापसाची उत्पादकता वाडोवपाचेर लक्ष केंद्रीत केलां अशे सांगले .आधुनीक पिकावळ उत्पादन तंत्रगिन्यान व्हड प्रमाणांत आपणावपाक प्रोत्साहन दिवपा वांगडाच रोग आनी किडींक प्रतिकार करपी चड उत्पन्न दिवपी जातीचीं बियो तयार करपाचो हे येवजणेचो हेत आसा. हे येवजणेचो फायदो सुमार 32 लाख कापूस शेतकारांक जातलो आनी 2030-31 मेरेन कापसाचें उत्पादन 498 लाख मेरेन वाडटलें असो अदमास आसा.तशेंच केंद्रीय मंत्रीमंडळान आपत्कालीन पतपुरवठ्याची हमी येवजण 5.0 मान्य केल्या. अस्तंत आशियांतल्या

संकश्टांतल्यान निर्माण जावपी अल्पकाळांतल्या वेवसायांक मजत करपा खातीर पत हमी आदार दिवपाचो हे येवजणेचो हेत आसा अशें मंत्री वैष्णव हाणी सांगलें . हे येवजणे खाला एमएसएमई खातीर शंबर टक्के पत हमी दितले, जाल्यार बिगर एमएसएमई आनी विमान कंपनी खातीर 90 टक्के हमी दितले.

वेचणुक

पश्चिम बंगाल आणि तामिळनाडूच्या विधानसभा वेचणुकांनी दोन आघाड्यांचेर इतिहास घडयलो. पश्चिम बंगालात भारतीय जनता पक्षान पयलेच खेप प्रचंड जनादेश मेळयलो, तर तामिळनाडूत  नवीन तमिळगा वेत्री कळघम (टीव्हीके) पक्षान सगळ्यात व्हड पक्ष म्हणून आपले स्थान निर्माण केले. हेर विधानसभा वेचणुकांनी, आसाम आणि पुदुचेरीन आपल्या विद्‌यमान सरकारांक परत वेचले तर केरळन काँग्रेस यूडीएफ आघाडीक मतदान केले.ह्या  जैता विशी उलयताना  प्रधान मंत्रयांनी म्हणले byte  pm

election

राज्यांत वेंचणूक प्रक्रिया पुराय जाले उपरांत वेंचणूक आयोगान अस्तंत बंगालांत नवी विधानसभा घडोवपा खातीर अधिसुचोवणी जारी केल्या.अस्तंत बंगालाच्या राज्यपालाक ही अधिसुचोवणी धाडून वेंचणुक औपचारीकपणान सोंपता आनी नव्या सरकाराची निर्मिती करपाची माची तयार केल्या.निकाल जाहीर जाले उपरांत अधिसुचोवणी जारी करप हें एक मुखेल घटनात्मक पावल आसा अशें वेंचणूक आयोगाच्या एका वरिश्ठ अधिकाऱ्यान सांगलें

Farmers

शेतकारांक 4,800 कोटी रुपयां परस चड मोलाचो किमान आदार दर (एमएसपी) दिवन सरकारान शेतकारांच्या हितांत निर्णायक पावल उबारलां. केंद्रीय कृशी आनी शेतकार कल्याण मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी ह्या वर्सा खातीर रबी पिकाच्या हंगामा खातीर कर्नाटकांतल्या एमएसपींत 9 हजार मेट्रीक टन वयर सूर्यफूल खरेदी करपाक मान्यताय दिल्या.

ही आसा एक कळोवणी

आकाशवाणी आल्तीन पणजी केंद्राचा खबरा विभागा वरवी 'खबरा वाचक तशेच अणकारक पदाखातीर कराराचेर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. उमेदवार पदवीधर आसप गरजेचें. पिराय 21 ते 50 वर्सां मजगतीं आसची. कोंकणी भाशेचें गिन्यान , तशेंच इंग्लीश-कोंकणी आनी कोंकणी-इंग्लीश अणकार करपाचें कसब आसचें. प्रसारणाखातीर योग्य आवाज आसपाक जाय. अर्ज करपाची निमणी तारीख 17 मे २०२६ आसा.

वेदर

भारतीय हवामान विभागान फुडले दोन दीस मध्य प्रदेश, विदर्भा आनी छत्तीसगडात गडगड, वीज आनी हलके ते मध्यम वारया सयत हल्को ते मध्यम प्रमाणात पावस पडपाचो अदमास दिला. दर्यादेग आंध्र प्रदेश आनी यानामात आयज मेरेन, आनी शुक्रारा मेरेन गुजरात, गोंय आनी कोंकण हांगा उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास उक्तायला.

* प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज नवी दिल्लींत व्हिएतनामाचे राष्ट्राध्यक्ष तो लाम हांचा कडेन उलोवणी करतले.

* विधानसभा वेंचणुकेचो निकाल जाहीर जाले उपरांत अस्तंत बंगाल, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी केरळमांत सरकार घडोवपा खातीर राजकी वावर खर जाला.

* केंद्रीय मंत्रीमंडळान 5,600 कोटी रुपया परस चड खर्च करून कापूस उत्पादकता मिशन Kapas Kantiक मान्यताय दिल्या.

* शेतकारांक 4,800 कोटी रुपयां परस चड मोलाचो किमान आदार दर दिवन सरकारान शेतकारांच्या हितांत निर्णायक पावल उबारलां.